२७-१०-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो

गोमंतकीयांची घरे नियमित करपाखातीर माझे घर योवजण - मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत

.'म्हजें घर येवजणे'चे अर्ज वाटपाच्यो कार्यावळी आयज राज्याच्या तरेकवार वाठारात जाल्यो. ह्या सगल्या कार्यावळींक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हणून हाजीर रावले. गोंयच्या लोकांक तांच्या घरांचे मालकी हक्क नियमित करपाखातीर आनी भावी पिळगेक शांततेन घरात रावपाक मेळचें हेखातीर राज्य सरकारान 'म्हाजे घर येवजण' सुरू केल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. काल साखळी रवींद्र भवन सभाघरात जाल्ल्या म्हजे घर येवजणेच्या अर्ज वाटपाच्या कार्यावळीत ते उलयताले. "मनीस आपल्या आयुष्यात एकदाच घर बांधता आनी ताचे एकूच सपन असता की हे घर फुडल्या पिळगेक हस्तांतरित करप. म्हणूनूच आमी ही येवजण सुरू केल्या अशेंय ते उलयले.

हे कार्यावळी  उत्तर गोंय जिल्लोधिकारी अंकित यादव, नावेलीचे सरपंच रोहीदास कानसेकर, हरवळेचे सरपंच, जील्लो पंचायत वांगडी गोपाळ सुर्लेकर, साखळी भाजप मंडळ अध्यक्ष हजर आशिले.

"आमचे सरकार राज्यातील लोकांचो 'हॅपिनेस इंडेक्स' वाडोवपाचो यत्न करता. मनीस जल्माक येता तेन्ना कायच घेवन येना आनी वतानाही कायच व्हरना. ताकालागून  सगळ्याक आवाहन करता की,हे येवजणेचे फॉर्म घेयात. अधिकारी आनी पंचायत वांगडी तुमच्या अर्जाची प्रक्रिया आनी कागदपत्रा तयार करपाखातीर मजत करतले. अशेंय मुखेलमंत्र्यानी सांगले.  विरोधकांनी हे येवजणेक विरोध करपाचो यत्न केला अशेंय मुखेलमंत्र्यांनी सांगले.

कोमुनिदाद जमनीतली घरां कायदेशीर करपा खातीर कोमुनिदादींनी सहकार्य करचें, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें सांखळे उपरांत कुंभारजुव्यां मतदारसंघांतल्या पोरणें गोंय जाल्ले कार्यावळ जाली. ह्या वेळार आमदार राजेश फळदेसाय आनी पोरणें गोंय पंचायतीचे पंच हाजीर आशिल्ले.दरेकल्या कडेन स्वताच्या हक्काचें घर आसपाक जाय. हे खातीर 'म्हजें घर येवजणेची' कार्यवाय सुरू आसा. हे येवजणे खाला घराचें विभाजन जाले उपरांत अटल आसरो येवजणेचो लावूय घरां नांवार जाल्ल्या सगल्या भावांक मेळटलो. सरकारी, कोमुनिदाद वा खासगी सुवातेवेलें खंयचेच घर मोडचें न्हय, होच हेतू हे येवजणे फाटलो जावन आसा.कांय दिसां उपरांत सगल्या पंचायतींनी अर्ज दिवन, ते भरून घेवपाक शिबिरां आयोजीत करतले. ह्या शिबिरांनी अर्ज भरपा वांगडा कागदपत्रां विशींय गरजेचें मार्गदर्शन करतले, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

Jangana - 102

२०२७ वर्साचे जनगणनेचे तयारे खातीर देशभरांतल्या वेगवेगळ्या राज्यांनी पूर्व चांचणी करतले. ते प्रमाण गोंयच्या गांवगिऱ्या वाठारां खातीर पेडणेंतलो कोरगांव, आनी शारां खातीर मडगावांतल्या प्रभाग १६ ची निवड केल्या. ही पूर्व

चांचणी १० ते ३० नोव्हेंबर मेरेन जातली. दोनूय जिल्हयांच्या जिल्होधिकाऱ्यांची मुखेल जनगणना अधिकारी म्हूण नेमणूक केल्या. अॅपावरवीं स्वताची म्हायती एकठांय करपाचो पर्याय १ ते ७ नोव्हेंबर मेरेन उपलब्ध आसतलो.पूर्व चांचणेंत जनगणने संबंदीत सगल्या आंगांचो आस्पाव जातलो. जनगणनेंतल्या प्रस्तावीत प्रस्नांचें मुल्यांकन, डेटा एकठांय करपाची पद्दत, प्रशिक्षणाची परिणामकारकता, रसद, छापणावळ प्रक्रिया, डेटा गुणवत्तेचें मुल्यांकन, संभाव्य समस्यांची वळख आदी हांचें मुल्यांकन करपा खातीर पूर्व चांचणी करतले. पयलेच खेपे डेटा एकठांय करपा खातीर मोबायल अॅप वापरतले.

प्रधानमंत्री मन की बात वंदे मातरम -

राष्ट्रगीत 'वंदे मातरम'च्या रचनेच्या १५० व्या वर्धापन दिसानिमतान देशभरात खाशेल्यो कार्यावळी आयोजित करतले. काल, आकाशवाणीच्या 'मन की बात' कार्यावळीत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ही म्हायती दिली. हेविशी उलयताना तांणी सांगले... byte

Subhash jan kala academy

कला अकादमीची भांगरा उत्सवी कोंकणी नाटक सर्त फाल्यासावन फोंडा राजीव गांधी कला मंदिरात सुरू जातली. दर दीसा सात वरांचेर ह्या नाटकांक सुरवात जातली. फाल्यांचो शुभारंभी प्रयोग बांदोडेच्या महालक्ष्मी प्रासादीक नाटय समाज ह्या संस्थेच्या मुकेश थळी लिखीत ' जाळें. ' ह्या नाटकान जातलो. कोंकणी नाट्य सर्तीत ओंदू १८ नाटकां सादर जातली. सर्तीतले निमाणें नाटक १५ नोव्हेंबराक सादर जातलें.

हवामान

दिवाळे सावन सुरू जाल्या बिगरमोसमी पावसाचो नेट सध्या वाडला. काल आयतारा दीसभर दमट हवामान आशिल्ले. आता मेरेन राज्यात 1 ऑक्टोबर उपरांत 2.61 इंच पावसाची नोंद जाल्या. 29 ऑक्टाेबर मेरेन येलो ॲलर्ट जारी केला. राज्यात आयजूंय कांय वाठारांनी पावस पडपाचो अदमास गोंय वेदशाळेन उक्तायला. फुडल्या 6 दिस राज्यात चडान चड तापमान २९ डिग्री सेल्सियस जाल्यार उण्यात उणे तापमान २४ डिग्री सेल्सियस आसतले अशें गोंय वेदशाळेन कळीत केला.

स्पोर्ट्स 100

**Sketing association** ऑफ गोवा वतीन बेतूळ हांगा **ONGC** हेली पेडाचेर आयज 8 वी राज्य स्त्रीय रोलीग **Sketing** सरत जाली. हातूतले खेळगडे 5 ते 15 डिसेंबर मज गती जावपी भारतीय रोलर **Sketing** महासंघाच्या 63 व्या स्पीड **Sketing** सरती खातीर वेचतले